# दिव्यांग व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 14 जुलय 2023

2022 आनी 2023 वर्सा खातीरच्या दिव्यांग व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर फकत गृह मंत्रालयान डिजायन केल्ल्या पासवर्ड संरक्षित केंद्रीयकृत (URL awards.gov.in ) ह्या पोर्टलावयल्यान ऑनलायन नामांकनां/अर्ज मागयल्यात. ह्या पुरस्कारांखातीर भौतिक स्वरूपातली नामांकनां/अर्ज स्वीकारपात येवचे ना.

सामाजिक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालय दिव्यांग व्यक्तींच्या सक्षमीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार येवजण राबयता. हे राष्ट्रीय पुरस्कार दर वर्सा 3 डिसेंबराक दिव्यांग व्यक्तीं आंतरराष्ट्रीय दिसा भेटोवपात येता.

दिव्यांग व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीरची सोपी आनी तर्कशुध्द मार्गदर्शक तत्त्वां विभागाच्या ( www.disabilityaffairs.gov.in ) ह्या वेब पोर्टलाचेर तशेंच ( www.awards.gov.in ) ह्या पुरस्कार पोर्टलाचेर उपलब्ध आसात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/561

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.